नमस्कार आकाशवाणी प्रादेशिक खबरा विभागा वरवीं अक्षता बोडके तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता. मुखेल खबरो नमसका छांव मादयो आसन का मुख खो

१) राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज संवसदेचे संयुक्त बसकेंत उलोवप करतल्यो

२) काल ओम बिर्ला हांची लोकसभेचे नवे सभापती म्हणून नेमणूक जाली.

३) नीट पेपर लीक प्रकरणाची चवकशी करपा खातीर काल सीबीआयचो पंगड झारखंडांतल्या हजारीबाग हांगाच्या ओएसिस शाळेत पावलो.

४) जम्मू-काश्मीरांत काल दोड़ा जिल्ह्यांतल्या रान वाठारांत / सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या गांठभेटीत तीन आतंकवाद्यांक मरण आयले.

५) दूरसंचार सेवा पुरवणदारांची नवी स्पॅक्ट्रम नवीस केल्लो स्पॅक्ट्रम लिलाव यशस्वीपणान सोंपला. गरज भागोवपा खातीर खातीर है

प्रेसिडेंट 38

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयज संसदेचे संयुक्त बसकेंत उलोवप करतल्यो राष्ट्रपतींच्या मार्गदर्शना उपरांत / संसदेच्या दोनूय सभाघरांनी उपकार प्रस्ताव मांडटले आनी ताचेर वांगडी चर्चा करतले. अठराव्या लोकसभेचें पयलें अधिवेशन फाटल्या सोमारा सुरु जालें आनी आयज राज्यसभेचें अधिवेशन सुरू जातलें.

STORY

भाजपाचे वरिश्ठ खासदार ओम बिर्ला हांची काल अठराव्या लोकसभेचे सभापती म्हणून नेमणूक, जाली. सभापती ओम बिर्ला हांची आधी फाटल्या लोकसभेत सभापती म्हणून नेमणूक जाल्ली. सभापती ओम बिर्ला हाणी आपल्या मार्गदर्शनात सभाघरांतल्या सगळ्या वांगड्यांक परतून सभापती म्हणून नेमणूक केल्ल्या खातीर / तांभी विस्वासाचे उपकार मानले. संसदीय मुल्यां आनी

लोकशाय परंपरा समृध्द करप हे आपलें प्राधान्य आसतलें में/ह हांचेर तांणी भर दिलो. 18 वी लोकसभा संवसारांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या लोकशायेच्या उत्सवाचें प्रतिनिधित्व करता/ चौसष्ट कोटी वयर मतदार व्हड उमेदीन वेंचणुकेंत वांटो घेतात अशें तांणी म्हणले. लोकांची अपेक्षा, आशा, आकांक्षा प्रभावीपणान पुराय करपाची जापसालदारकी / खासदारांचेर आसा हाचेर तांणी भर दिलो. सभाघरांत वादविवाद आनी चर्चा करपाचें म्हत्व सभापतीन स्पश्ट केलें सभापतींक परतून वैचणूक मेळ्ळ्या उपरांत प्रबीं दितना समापनी मृणुन ते प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी, नौका दुसरे खेपे परतून वेंचून आयिल्ल्यान इतिहास तयार जाला अशे सांगले फुडल्या पांच वर्सात सभापती ओम बिर्ला हांच्या मार्गदर्शनाची सभाघर वाट पळयता असो विस्वास/तांणी उक्तायलो. आदल्या लोकसभेत सभापतींच्या खाला/ सत्त्याण्णव फुडारपणा टक्के विक्रमी उत्पादकता मेळ्ळी, जाका लागून संसदीय लोकशायेचेर लोकांचो विस्वास वाडलो अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी नदरेक हाडलें. विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी हणिय सभापतींक परबीं दिवन / सभाघर लोकांच्या आवाजाचें प्रतिनिधित्व करता अशें कळयलें सभाघराचें काम सुगम करपा खातीर / विरोधकांचो आदार मेळटलो/ अशें आश्वासन/तांणी दिलें. समाजवादी पक्षाचे फुडारी अखिलेश यादव हांणी सभापतीचे भुमिकेचेर भर दिलो. हेर वेगवेगळ्या फुडाऱ्यांनी हे निमतान आपली मता मांडली.

NEET CBI 95

नीट पेपर लीक प्रकरणाची चवकशी करपा खातीर काल सीबीआयचो पंगड हजारीबाग झारखंडांतल्या ओएसिस शाळेत पावलो. पेपर लीक संबंदीत वेगवेगळ्या संबंदा विशीं सीबीआयन शाळेच्या प्राचार्याची चवकशी केली. चवकशी केल्या उपरांत सीबीआयन फुडले चवकशे खातीर प्राचार्याक आपल्या वांगडा व्हेलो. प्राचार्य नीट परिक्षे खातीर हजारीबागच्या शाळांचे नगर समन्वयक आशिल्ले. तशेंच प्रस्नपत्रिका सांठोवन दवरिल्ल्या SBD एसबीआय हजारीबागच्या अधिकाऱ्यां कडेन सीबीआय तीर / पंगडान प्रस्न विचारले. पाटणाच्या खेमनीचक खेळ शाळेतल्यान जप्त केल्लें जळिल्लें प्रस्नपत्रिका, राष्ट्रीय चांचणी एजन्सी कडल्यान मेळिल्ल्या प्रस्नपत्रिका कडेन जुळटा/अशें बिहाराच्या अर्थीक गुन्यांव

एककान हाचे पयलीं सांगिल्लें आनी/त्या प्रस्नपत्रिकाची माळ / हजारीबागच्या कल्लू चौक हांगाच्या ओएसिस शाळेतल्या परिक्षा केंद्रांत धाडिल्ली.

JK TERRORISTS 65

जम्मू-काश्मीरांत काल दोडा जिल्ह्यांतल्या रान वाठारांत सुरक्षा दळां कडेन जाल्ल्या गांठभेटीत तीन आतंकवाद्यांक मरण आयलें. दोंगरी जिल्हो/दोडाच्या / गंडोह वाठारांतल्या बाजाद गांवांत काल सकाळीं सुमार णव जावन पन्नास वरांचेर संयुक्त सुरक्षा दळान / घेराव आनी सोद घेवपाची कारवाय / कुचाच्या चिखलांत लिपून आशिल्ल्या आतंकवाद्यां कडल्यान व्हड गोळीबार जालो जालो अशें कळयलां. धोकांतलें घर. ते भायर सोद पक्षांचेर गोळीबार केल्ल्यान एका आतंकवाद्याक मरण आयलें. उपरांत आनीक दोन आतंकवादी निश्क्रीय जाले.

SPECTRUM 78

दूरसंचार सेवा पुरवणदारांची नवी स्पॅक्ट्रम गरज भागोवपा खातीर आनी मोबायल सेवांच्या सातत्य वाडपा खातीर कालबाह्य जावधी परवान्यांचे नूतनीकरण करपा खातीर केल्लो स्पॅक्ट्रम लिलाव यशस्वीपणान सोंपला. उपलब्ध आशिल्ल्या सगळ्या स्पॅक्ट्रमाक लिलावा खातीर घाल्ल्याचें संचारण मंत्रालयान सांगलें. अंदू लिलावांत णवशे मेगाहर्ज, एक हजार आठशे मेगाहर्ज, दोन हजार शंबर मेगाहर्ज आनी दोन हजार पातशे मेगाहर्ज बँडांत क्रियाशीलताय दिसून आयल्या. स्पॅक्ट्रम लिलाव 2024 हो पारदर्शक, घटमूट आनी प्रगती करपी सतत वाटप प्रक्रियेचो एक भाग आशिल्लो/अशे संचारण मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया हांणी निवेदनांत म्हणलां.

DRDO

संरक्षण संशोधन आनी विकास संघटना डीआरडीओ हांणी chaft काल नवी दिल्लीत जाल्ल्या सुवाळ्यांत मध्यम रेंज- मायक्रोवेव्ह अस्पष्ट चॅफ रॉकेट भारतीय नौदलाचा सुबंडी obscurent craft केलें. मायक्रोवेव ऑब्स्क्युरेंट चॅफ हें जोधपूरांतल्या डीआरडीओच्या संरक्षण प्रयोगशाळेन तयार केल्लें एक तंत्रज्ञान.

हाक लागुन रडार संकेत अस्पश्ट जाता/आनी प्लॅटफॉर्म आनी मालमत्तेभोंवतणी मायक्रोवेव्ह ढाल तयार जावन रडाराचो सोद उणो जाता. मध्यम श्रेणींतल्या चॅफ रॉकेटांत खाशेल्या प्रकारचे तंतू एकठांय केल्यात. रॉकेट फायर करतना अवकाशांत मायक्रोवेव्ह अस्पश्ट मेघ तयार करता आनी की फावो त्या वाठारांत पातळटा.

ड्रग्स एचएम 96

भारताक घुंवळी वकदा पासून मुक्त राष्ट्र करपाची सरकाराची वचनबद्धताय घट्ट आसा आनी पुराय सरकाराच्या पद्दतीन हें ध्येय साध्य करपाचे दिकेन वचपाक लागलां अशें घरमंत्री अमित शाहान स्पश्ट केलें. प्रसार माध्यमांत केल्ल्या पोस्टांत तांणी / घुंवळी वकदा आड झुजपाच्या मळार सरकारान बरो समन्वय आपणायला अशें तांणी म्हणले घुंवळी वकदांचेर शून्य सहिश्णुताय ह्या धोरणांतल्यान घुंवळी वकदाचे व्यसन पुरायपणान ना करपाचें सरकारान थारायलां अशें तांणी सांगलें. घुंवळी वकदा हि / फकत व्यक्तीक न्हय/तर हि/ कस्पाचे समाजाक आनी राश्ट्रीय सुरक्षाक संकष्ट आसा अशें तांणी स्पष्ट केलें. भारताक घुंवळी वकदा पासून मुक्त राष्ट्र है सरकाराचें एक मुखेल प्राधान्य आसा अशें तांणी सांगलें.

Telangana 127

राज्य सरकारान राज्यांतल्या तीन मुखेल म्हाविद्यालयांनी नागरी कामां खातीर वैजकी शिक्षण संचालनालयाक दोनशे कोटी वयर रुपया दिवपाचो आदेश दिल्ल्यान तेलंगणांतल्या कनिश्ट दोतोरांनी तीन दिसांचो संप बंद केलो. गांधी मेडिकल कॉलेज, हैदराबादांतल्या उस्मानिया मेडिकल कॉलेज आनी वारंगल हांगाच्या काकतिया मेडिकल कॉलेजींत हॉस्टेल इमारती सयत तांच्या मागण्यां विशीं भलायकी खात्याचे अधिकारी आनी भलायकी मंत्री सी. दामोदर राजा नरसिंहा हांचे कडेन चर्चा केली. हैदराबादांत मंत्रीमंडळा वांगडा जाल्ले पत्रकार परिशदेंत कनिश्ट दोतोरांनी संप बंद करपाचो निर्णय जाहीर केलो. शिश्यवृत्तीत् कळाव आशिल्ल्या जावचो न्हय हे खातीर खात्यान चालू अर्थीक वर्सा DME डीएमईक चारशे स कोटी रुपयांची मंजुरी दिवपाचो आदेश जारी केला अशें भलायकी मंत्र्यान सांगलें. नागरी कामां विशींचो जीओ जारी केल्ल्यान निविदा

प्रक्रिया बेगीन सुरु जातली असोय उल्लेख तांणी केला. नव्या उस्मानिया जनरल हॉस्पिटल इमारतीचों प्रस्न तेलंगणा उच्च न्यायालयांत प्रलंबीत आसा अशें तांणी फुडें सांगलें.

ODISHA RAIN 90

बंगालच्या खाडीचेर चक्रीवादळाच्या परिभ्रमणाच्या प्रभावाक लागून फुडल्या तीन दिसांनी ओडिशाक एकसुरे सुवातेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. फाल्यां आनी उपरांतच्या दिसा राज्यांतल्या कांय जिल्ह्यांनी उटानगराचो पावस पडपा वांगडाच ह्या म्हयन्याच्या अठ्ठावीस तारखे मेरेन वादळी वाऱ्या वांगडा गडगड आसूं येता अशें भारतीय हवामान खात्यान सांगलां. मजगतीं, आयज खोर्दा, कटक, बालांगीर, मल्कांगिरी, कोरापूत, रायगडा, गजपती, गंजाम, कलाहांडी, कंधमाल, नुआपाडा, आनी बरगढ हांगा कांय सुवातींनी व्हड पावस पडलीं. हवामान तज्ञांच्या म्हणण्या प्रमाण चक्रीवादळाच्या परिभ्रमणाक लागून राज्यांतल्या पावसाची तूट उणी करपाक मजत जातली. ओडिशाक ह्या म्हयन्यांत पावसांत बेचाळीस टक्के तूट नोंद जाल्ली.

IMD 176

फुडल्या तीन ते चार दिसांत अस्तंत व्दीपकल्प दर्यादेगेर आनी ईशान्य भारतात 27 ते 30 जून ह्या काळांत उटानगराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा. वायव्य भारतात पावसाची क्रिया वाडपाची शक्यताय आसा आनी 28 ते 30 जून ह्या काळांत व्हड ते खूब व्हड पावस पडपाची शक्यताय आसा. फुडल्या 3 ते 4 दिसांत नैऋत्य पावस आनीक फुडें वचपाची शक्यताय आसा मंद आनी अस्तंत आनी दक्षिण राज्याच्या भागांत/म गतींत पडटलो अशें भारतीय हवामान खात्यान कळयला. फुडल्या अट्ठेचाळीस वरांत उश्णताय परिस्थितींत वळवळपी वाठारांनी पावस आनीक पातळटलो असो अदमास पाटणाच्या हवामानशास्त्रीय म्हायती वेवस्थापनान अदमास उक्तायला. तमिळनाडू प्रादेशिक हवामान खात्यान फुडल्या सात दिसां खातीर नीलगिरी जिल्ह्याचेर आनी कोयंबटूर जिल्ह्यांतल्या घाट वाठारांनी एकसुरे सुवातेर पावस् पडपाचो अदमास काडला. तशेंच कान्यकुमारी

जिल्ह्याचेर आनी तिरुपपूर, दिंडीगुल, थेनी, तेनकासी आनी तिरुनेलवेली जिल्ह्यांच्या घाट वाठारांनी एकसुरे सुवातेर पावस पडपाची शक्यत्तीय आसा.

गणगती

गोंयांत व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास नी उक्तायला आणि येल्लो अलर्ट जारी केला. भारतीय हवामान विभागान 28 जून मेरेन खर हवामानाची शिटकावणी दिल्या आनी ह्या काळांत दक्षिण महाराष्ट्र- गोंय दर्यादेगेर खार पावसाची शिटकावणी दिल्या केरळांत राज्यांतल्या सात जिल्ह्यांनी ऑरेंज अलर्ट जारी केल्ल्यान खूब व्हेइ पावस पडपाचो संकेत दिला.